आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं

Date: 25/04/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM
Panaji National 25 April 2026 6:30 am

90 राधाकृष्णन

कॅन्सरा आड झुजपाक आनी दुयेंसाचेर जैत मेळोवपाखातीर मानसीक बळगें म्हत्वाचें अशें उप राष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणला. जयपूरांत राजस्थान विद्यापिठाच्या पस्तीसाव्या दीक्षांत सुवाळयांत आयज ते उलयताले. कॅन्सर जावचो न्हय म्हूण, खास करून तरणाट्यांक मादक पदार्थ आनी तंबाखू पासत पयस रावपाचो संदेश ताणी दिला. कॅन्सर आडावपा विशीं लोकांक शिक्षण दिवपा खातीर व्हड प्रमाणांत भौशीक जागृताय मोहीम सुरू करपाचो उलो मारताना ताणी म्हणला..

कॅन्सरा आड रसायन चिकित्सा ही एक उपचार पद्धत आसा, पूण हालींच्या काळांत टॅबलेट आदारीत उपचार पद्दत सुरू करपी वैजकी उदरगत ही एक पालव दिवपी उदरगत आसा अशें तांणी उक्तायलें.

अश्विनी वैष्णव 100

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज बेंगळुरूंतल्या BEMLलांत ‘आदित्य’ या ‘आत्मनिर्भर’ आनी वेगान चलपी बुलेट ट्रेन तयार करपाच्या प्रकल्पाचे उद्घाटन केलें. ऑल इंडिया रेडिओ आनी दूरदर्शना कडेन उलयतना तांणी ह्या प्रकल्पाचो पयलो नमुनो फुडल्या वर्सा तयार जातलो, आनी प्रत्यक्ष उत्पादन 2027 वर्साच्या निमाण्याअर्दांत सुरू जावपाचें आसा अशी म्हायती दिली.

फुडल्या कांय म्हयन्यांभितर बेंगळुरू-मंगळुरू-मडगांव मार्गाचेर ‘वंदे भारत’ रेल्वे सेवा सुरू करतले अशें मंत्रीमंडळान जाहीर केला. ते भायर बेंगळुरू आनी मुंबय हांचे मदीं सुपरफास्ट गाडी आनी ‘वंदे भारत स्लीपर’ गाडीय बेगीनुच सुरू जावपाची आसा. बेंगळुरू उपनगरीय रेल्वे प्रकल्पाचे प्रगतीचेर तांणी समाधान उक्तायलें आनी आतां जमनी संपादन प्रक्रियेक गती मेळळयाचे फुडे सांगलें.

नीती आयोग 39

सरकारान नीती आयोगाची पुनर्रचना केल्या. निती आयोगाचे नवे उपाध्यक्ष अर्थशास्त्रज्ञ अशोक कुमार लाहिरी हांणी आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्र्यांकडेन बसका घेतली. हे बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नीती आयोगाचे उपाध्यक्ष म्हणून अशोक कुमार लाहिरी हांची नेमणूक जाल्ल्याबद्दल तांका परबी दिल्या.

128 निर्मला

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज सगळ्या अर्थीक नियंत्रकांक सामान्य नागरिकांखातीर केवायसी प्रक्रिया सोपी करपाखातीर एकठांय काम करचें असो उलो मारला. आयज मुंबयंत सेबी म्हाळ्यार भारतीय सुरक्षा आनी विनिमय मंडळाच्या आडतिसाव्या स्थापना दिसाच्या सुवाळ्यान त्यो उलयताल्यो.

ह्या कार्यावळी वेळार ताणी सेबीच्या ‘जाग्रूक’ या गुंतवणूकदार जागरूकता उपक्रमाचे उक्तावण केले. खंयच्याच नागरिकाक जायत्या अर्थीक उत्पादनां आनी प्लॅटफॉर्मांचेर तीचतीच पडताळणी परतून करची पडची न्हय हाची जतनाय घेवप ही सगळ्या भागधारकांची जापसालदारकी आसा अशे ताणी म्हणला..

खेळ  23

आयज IPL क्रिकेट खेळा सरतींत राजस्थान रॉयल्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद हे पंगड जयपूरच्या सवाई मानसिंग स्टेडियमांत एकामेकां आड खेळटले. मॅच सांजेच्या 7 ; 30 वरांचेर सुरू जातली.

हवामान 55

देशांतल्या जायत्या वाठारांनी तापमान वाडत आसा. तापमान सरासरी परस चड पातळेचेर पावील्ल्यान भारतीय हवामान खात्यान उश्णताय ल्हारां संबंदी मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत.

भारतीय हवामान खात्यान  आयज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब आनी चंडीगडाच्या कांय वाठारांनी उष्णताय वाडल्या कारणान yellow alert जारी केला. राजस्थान आनी उत्तर प्रदेशांतय फाल्यां मेरेन अशीच परिस्थिती आसतली असो हवामान खात्याचो अदमास आसा. बिहार, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटक, गुजरात, केरळ, माहे, कोकण, गोंय आनी मणिपूरांत आयज उश्ण आनी दमट हवामान आसतलें. उत्तर कर्नाटकांत फाल्यां मेरेन गडगड मारून गारांचो पावस पडपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.

आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.